**<u>फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर  प्रजासत्ताक दीस सुवाळो जालो</u>**

ता. 26 जानेवारी  2022

फोंडेच्या क्रांती मैदानाचेर आयोजीत 73 व्या प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्यात अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. प्रशांत पी. शिरोडकर हांणी राष्ट्रीय तिरंगो बावटो हुबोवन मानवंदना दिली.

सुवाळ्यात उलयताना श्री. प्रशांत पी. शिरोडकर हांणी देशाच्या इतिहासात प्रजासत्ताक दिसाक व्हड म्हत्व आशिल्ल्याचे सांगून 1950 वर्सा ह्याच दिसा आमच्या देशाचे संविधान अमलात आयले, अशें म्हणलें. देशाचे संविधान हे आमच्या खातीर प्रेरणा आसून आमी आमचे कर्तव्य वळखून देशाच्या प्रगती खातीर योगदान दिवपाक जाय, अशेंय तांणी सांगलें.

सुरवातीक श्री. शिरोडकर हांणी हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपले आनी संचलनाची पळोवणी केली.

उपजिल्हाधिकारी श्री. प्रदीप एस. नाईक, पुलीस उपअधिक्षक सी. एल. पाटील आनी हेर सरकारी अधिकारी सुवाळ्याक उपस्थित आशिल्ले.

सदर फोंडेच्या सरकारी हायस्कुलच्या शिक्षकांनी देशभक्ती गीतां सादर केली.

श्री. गिरीष वेळगेकर हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/77

-

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji